**कला आनी संस्कृती खात्याच्या  माटोळी आनी देखावो सजावट सर्तीचो  निकाल जाहीर**

ता. 9 सप्टेंबर  2022

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान ह्या वर्सा गणेश चतुर्थीच्या उत्सवानिमतान राज्य पांवड्याचेर आयोजीत केल्ल्या  माटोळी आनी भौशीक गणेशोत्सव देखावो  सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला.

ह्या वर्सा माटोळी सजावट सर्तीत 11 स्पर्धकांनी वाटो घेतिल्लो. माटोळी सजावट सर्तीचे 15,000/- रूपयांचे पयले इनाम  श्री. दत्ता शंभू नाईक, गावठण प्रियेळ, फोंडा, दुसरे 10,000/- रूपयांचे इनाम श्री. विशांत वसंत गावडे, केळबाय कुर्टी, फोंडा  आनी तिसरे 7,500/-रूपयांचे इनाम श्री. तानाजी गावडे, तळुले बांदोडा   फोंडा हांकां फावो जाला.

माटोळी सजावट सर्तीत उमेद वाडोवपी प्रत्येकी  5,000 /- रूपयांचे इनाम तृप्ती पालकर, बोणयेवाडो सावयवेरे फोंडा, देऊ सत्यवान शेटकर, धारबांदोडा, , विठोबा वसंत गावडे, गोठण वेलींग, फोंडा, रमाकांत गावकर, बेतोडा फोंडा आनी  लक्ष्मण गावडे शेतावाडो वेलींग, फोंडा हांकां फावो जाला.

राज्य पांवड्यावयल्या माटोळी सर्तीचे परीक्षक म्हुण श्री.राजेंद्र केरकर, गोपिनाथ गावस, गोविंद शिरोडकर हांणी काम पळयले.

सार्वजनिक गणेश मंडळांखातीर राज्य पांवड्याचेर  आयोजीत देखावो सर्तीत ह्या वर्सा 20 गणेश उत्सव मंडळांनी/संस्थांनी वाटो घेतिल्लो. सर्तीचे 25,000/- रूपयांचे पयले इनाम  सार्वजनिक गणेशउत्सव मंडळ, कासरवर्णे, पेडणे, दुसरे  20,000/- रूपयांचे इनाम सार्वजनिक गणेशउत्सव मंडळ, कुसमणे केपे आनी तिसरे  15000/- रूपयांचे इनाम सार्वजनिक गणेशउत्सव मंडळ , चार रस्ता, काणकोण हांकां फावो जाला.

सर्तीचे उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7,000 /- रूपयांचे इनाम गोंय राखीव पुलीस, आल्तीन पणजी, सार्वजनीक गणेश उत्सव मंडळ, कोरगाव पेडणे,  सार्वजनीक सरस्वती उत्सव मंडळ, गौळावाडो कुंभारजुवा, शांतादुर्गा कला संघ, नॉन-मॉन वास्को,  हणजूण पुलीस स्टेशन, हणजूणा हांकां फावो जाला.

देखावो सर्तीचे परीक्षक म्हुण  श्री. दीपक गाड, सिध्दार्थ गोसावी आनी  शिवप्रसाद किनळेकर हांणी काम पळयले.

सर्तींच्या जैतवंतांक इनामां आनी प्रमाणपत्रां कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन आयोजीत करपात येवपी खास कार्यक्रमात भेटोवपात येतली. कार्यक्रमाची तारीख उपरांत  कळोवपात येतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/520

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji